# उदकास्त्रोत खात्यान संवसारीक उदक दीस मनयलो

ता.22 मार्च 2018
1 चैत्र 1940

उदकास्त्रोत खात्यान आयज पर्वरें सिंचय भवनात संवसारीक उदक दीस मनयलो. उदकास्त्रोतमंत्री श्री. विनोद पालयेकर कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आशिल्ले. म्हादय प्रकरणाचे सल्लागार श्री. चेतन पंडित ह्या कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आशिल्ले. उदकास्त्रोत खात्याचे मुख्य अभियंते श्री. एस. डी. नाडकर्णी, प्रशासन संचालक श्री. उमेशचंद्र जोशी, अधिक्षक अभियंते श्री. एस डी. पाटील आनी खात्याचे हेर अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

ह्यावेळार उलयताना श्री. विनोद पालयेकर हांणी लोकांक उपलब्ध सौमीक साधनसंपत्तीचो योग्य आनी काळजी घेवन उपेग करपाचो उलो मारलो. ह्या संवसारात खंयचीय वस्त कायम नासता. जर आमी आमच्या सैमिक साधन संपत्तीचो सांबाळ केलो ना जाल्यार आमच्या फुडल्या पिळगेचे मोठे लुकसाण जातले. ते खातीर आमी उदक आनी हेर सैमीक साधनांचो जापसालदारकेन उपेग करपाक जाय. वेवस्थीत उदका पूरवण करपाखातीर खात्यावतीन प्रयत्न करतात, पूण आमीय सैमीक उदकास्त्रोतांचो सांबाळ करपाक आनी ती नितळ दवरपाक हातभार लावपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

श्री. चेतन पंडित हांणी 'अंडरस्टँडींग ट्रान्स-बेसीन वॉटर ट्रान्सफर' ह्या विशयावयल्या आपल्या व्याख्यानात म्हादय प्रस्नांचेर विचार मांडले. उदकास्त्रोतांचो सांबाळ, पर्यावरण आनी उदका पूरवण नियोजनाखातीर पारंपारिक आनी आधुनिक तंत्राचो वापर करपाची गरज उक्तायली.

ह्यावेळार मंत्र्याहस्तूकीं निवृत्त अभियंते श्री. आर. सी. धारवाड, व्ही. पी. पाळंदीकर, एस. एम. नाडकर्णी, एस. डी. नाईक, पी. एस. खांडेपारकर, व्ही. यु.बी. गायतोंडे, एस. परमसिव्हम, विश्वनाथ वालंदी, एस. व्ही. खानोलकर आनी ए. आर. एस. मुर्ती हांचो सन्मान केलो.

सुरवेक मुख्य अभियंते श्री. नाडकर्णी हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

उपसंचालक डॉ. गीता नागवेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले तर श्री. उमेशचंद्र जोशी हांणी निमणे उपकार मानले.